## बार्जी, बोटींचेर काम करपी कामगारांची प्रधानमंत्री विमा येवजणेखाला नोंदणी

ता. 18 डिसेंबर 2018
27 मार्गशीर्ष 1940

कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्यान उदका खेळां बोटी, बार्जी, पनेळ चलोवपी आनी क्रूझ बोटीचेंर काम करपी कामगारांची प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजण आनी प्रधानमंत्री जीवन ज्योती विमा येवजणेखाला नोंदणी करपा खातीर ता. 21 डिसेंबर 2018 दिसा खास शिबिराचे आयोजन केला. हया दोनीय येवजणेखाला नोंदणी करपा खातीर रू.12/- आनी रू.300/- वर्सूकी हप्तो आसा.

उदका खेळां बोटी, बार्जी, पनेळ चलोवपी आनी क्रूझ बोटीचेंर काम करपी कामगारांनी खंयच्याय राष्ट्रीय बँकेतल्या आपल्या बँक खात्याच्या पासबुकासयत शिबिराक हजर रावन वयल्या विमा येवजणेखाला नोंदणी करची, अशें कळीत केला.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1823